Panaji National 28th January 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानांत उत्कर्ष ओडिशा-मेक इन ओडिशा कॉन्क्लेवाचें उक्तावण करतले.

- भारत आनी चीन हांणी  द्विपक्षीय संबंदांचे स्थितीचो पुराय नियाळ घेतलो.  कैलास मानसरोवर यात्रा आनी थेट विमानसेवा, परतून सुरू करपाचेर सहमती व्यक्त केली.

- 70 वांगड्यांच्या दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार नेटान सुरू आसा.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तराखंडांतल्या देहरादूनात महाराणा प्रताप स्टेडियमांत 38व्या राष्ट्रीय खेळां सर्तीचें उक्तावण करतले.

- भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी सूरू आशिल्ल्या टी -20 क्रिकेट खेळामाळेतलो तीसरो खेळ आयज गुजरातातल्या राजकोटात जातलो.

PM Odisha – 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानांत उत्कर्ष ओडिशा-मेक इन ओडिशा कॉन्क्लेवाचें उक्तावण करतले. ह्या म्हयन्यांत मोदी हांची  ही दुसरी ओडिशा भेट आसतली.  ह्याच स्थळार ह्या म्हयन्याच्या णव तारखेक प्रवासी भारतीय दिवसाच्या उत्सवाक ते  हाजीर  आशिल्ले. उत्कर्ष ओडिशा ही ओडिशा सरकारान आयोजीत केल्ली मुखेल जागतीक गुंतवणूक शिखर परिशद. केंद्राच्या पूर्वोदय दृष्टिकोनाच्या अनुषंगान ओडिशाक देशातले एक आघाडीचे गुंतवणूक केंद्र आणि औद्योगिक केंद्र म्हणून स्थापित करपाचे हाजे उद्दिष्ट आसा. ओडिशाचे मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी, केंद्रीय मंत्री जुआल ओराम, धर्मेंद्र प्रधान, अश्विनी वैष्णव, वरिश्ठ अधिकारी आनी मुखेल उद्देजक हे कार्यावळींत वांटो घेतले.

India China – 85

भारत आनी चीन हांणी काल द्विपक्षीय संबंदांचे स्थितीचो पुराय नियाळ घेतलो आनी दोनूय देशां मदीं जाल्ले परराश्ट्र सचीव-उपमंत्री प्रणालीचे बसकेंत संबंद स्थीर करपा खातीर आनी परतून सक्रिय करपा खातीर लोक केंद्रीत उपाय करपाचें मान्य केलां. हे बसके खातीर परराश्ट्र सचीव विक्रम मिश्री चीनाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसात. 2025 वर्साच्या गिमांत कैलाश मानसरोवर यात्रा परतून सुरू करपाचो निर्णय दोनूय वटांनी घेतला अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलें. सद्याच्या करारा प्रमाण तशें करपाच्या मार्गाचेर संबंदीत यंत्रणा चर्चा करतली. दोनूय देशांमधली थेट हवाई सेवा परतून सुरू करपाचेर दोनूय बाजूंनी तत्वत: सहमती दाखयली.

Jaishankar UAE – 95

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आज अबू धाबीत जावपी रायसिना मिडल ईस्टच्या उद्घाटन सत्रात मुख्य भाषण दितले. युएईच्या तीन दिसांच्या भेटी वेळार , त्यांनी अबू धाबीत भारतीय दूतावासान आयोजित केलल्या ७६ व्या प्रजासत्ताक दिसाच्या कार्यावळींत तांणी वांटो घेतलो. ह्या वेळार उलयतना तांणी संवसारीक वेवस्थेंत लक्षणीय परिवर्तन जावपाक लागलां त्या काळांत भारत आनी युएई हांचे मदीं वाडत आशिल्ल्या समन्वयाचेर भर दिलो. अशा वेळार आव्हानां आनी संदी दोनूय येतात आनी खरी इश्टागतिची परिक्षा जाता आनी तशेंच घटमूट जाता अशें तांणी सांगलें. तशेंच दोनूय देशां मदल्या सामायिक मुल्यांचो आनी परस्पर विस्वासाचो डॉ जयशंकर हांणी उल्लेख केलो.

Delhi – 130

70 वांगड्यांच्या दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार सुरू आसा. भाजपा, आम आदमी पार्टी, कॉंग्रेसीचे नामनेचे फुडारी रोड शो, घरोघरी प्रचार करून, भौशीक बसका घेवन मतदारांक आपल्या उमेदवारांच्या बाजून आकर्षित करपाचो यत्न करतात. भाजपचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह आयज बदरपूर आनी कस्तूरबा नगर मतदारसंघांत रोडशो करतले. शाह कल्काजी वाठारांत भौशीक बसकेंतय उलोवप करतले. आम आदमी पक्षाचे राष्ट्रीय संयोजक अरविंद केजरीवाल आयज सांजवेळा घोंडा आनी करवाल

नगरांत भौशीक बसका घेतले. तशेंच आपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी पंजाबाचे मुख्यमंत्री भगवान मान राष्ट्रीय राजधानीच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी रोड-शो करून भौशीक बसकांनी उलोवप करतले. काँग्रेसचे वरिष्ठ फुडारी राहुल गांधी सांजवेळार पटपरगंज विधानसभा मतदारसंघात एका सभेत उलोवप करतले. काँग्रेसीचो आनीक एक फुडारी सचिन पायलट आपल्या पक्षाच्या उमेदवारांच्या फावोऱात लोकांचो तेंको मेळोवपा खातीर बादली वाठारांत रोडशो करतले.

दिल्ली विधानसभा वेंचणूक 5 फेब्रुवारीक जावपाची आसा आनी मतमेजणी 8 फेब्रुवारीक जातली.

Delhi Water – 85

हरियाणा सावन दिल्लीक पुरवण केल्ल्या उदकांत अमोनियाची मात्रा वाडल्या असो आरोप करपी निवेदन काल दिल्ली आनी पंजाबच्या मुख्यमंत्र्यांनि वेंचणूक आयोगाक दिला. हाचो दिल्लीच्या उदका पुरवणाचेर वायट परिणाम जाला अशें निवेदनांत म्हणलां. आज दनपारां 12 मेरेन ह्या प्रकरणाचेर बेगोबेग तथ्यात्मक अहवाल दिवपाचो निर्देश वेंचणूक आयोगान हरियाणा सरकाराक दिला अशें सूत्रांनी सांगलां. मजगतीं, राज्य यमुना उदकांत विख मिसळटा असो दावो केल्ल्यान हरियाणा सरकार आप फुडारी अरविंद केजरीवाल हाचेर खटलो दाखल करतलें अशें भाजपा सूत्रांनी सांगलें. दिल्लीच्या आदल्या मुख्यमंत्री आड भाजपा वेंचणूक आयोगा कडेन वतली अशें सूत्रांनी सांगलें.

PM national games – 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तराखंडांतल्या देहरादूनात महाराणा प्रताप स्टेडियमांत 38व्या राष्ट्रीय खेळां सर्तीचें उक्तावण करतले. केंद्रीय मंत्री, इंडियन ऑलिंपिक असोसिएशन आनी राष्ट्रीय खेळगड्या सयत वेगवेगळे अतिथी ह्या उक्तावण सुवाळ्याक हाजीर आसतले. इंडियन ऑलिंपिक असोसिएशनाच्यो अध्यक्ष पीटी उशा काल देहरादूनाक पावल्यो.

आमच्या प्रतिनिधीन दिलल्या माहितीप्रमाण, उद्घाटनाखातीर सगळी तयारी पुराय जाल्या. राश्ट्रीय खेळ  14 फेब्रुवारी मेरेन राज्यांतल्या 8 जिल्हयांतल्या 11 शारांनी जातले. ह्या काळांत 35 खेळांच्यो वट्ट 47 सर्ती जातल्यो.

Telangana – 70

तेलंगणा शिक्षण आयोगाचे अध्यक्ष ए मुराली हांणी काल मध्यान्ह जेवण येवजण आनी सरकारी शाळांनी आनी निवासी संस्थांनी मेस सुविधा चालीक लावपाचो अहवाल राज्याचे मुखेल सचीव शांति कुमारी कडेन सादर केलो. फाटल्या कांय म्हयन्यांत राज्यभरांतल्या शाळांनी अन्नातून विषबाधा जावपाची घडणूक घडल्या उपरांत हो अहवाल आयला. आयोगान आपल्या वांगड्या बरोबर राज्यांतल्या सगल्या 33 जिल्हयांतल्या शेंकड्यांनी सरकारी शाळा, निवासी संस्था, हॉस्टेल, कस्तूरबा गांधी बालिका विद्यालय येवजण आनी अंगणवाडी केंद्रांची तपासणी केली.

Telangana schemes – 65

तेलंगणा राज्य सरकारान Rythu Bharosa, Indiramma Atmiya Bharosa, Indirmma Indlu आनी नवी रेशन कार्डां सयत चार मुखेल येवजण्यो सुरू केल्यात आनी राज्यभरांतल्या 6 लाख 15 हजारां वयर पात्र नागरिकांक थेट फायदो जाला. ह्या येवजण्यांच्या लावार्थ्यां खातीर सरकारान काल सांजवेळा बीडीटी वरवीं 570 कोटी वयर रुपया जारी केल्यात. शेतकार, शेतमजूर, आनी बेघर  गरीबांक अर्थीक मजत दिवपी सगळ्या मंडळांतल्या 561 गांवांनी एकाच वेळार येवजण्यो चालीक लायल्यो.

Steel – 100

केंद्रीय पोलाद मंत्री एचडी कुमार स्वामी हाणी काल बोकारोक पयलेच खेपे भेट दितना बोकारो तिख्या प्लांटाची पळोवणी केली. स्वामी झारखंडाच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर आसात. आपल्या भेटी वेळार तांणी नव्या एयर सेपरेशन

युनिटाचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार स्वामी हांणी सांगलें की ताका लागून तिख्या कारखान्याची उत्पादकता वाडोवपाक मजत जातली. केंद्रीय तिख्या मंत्र्याची बोकारो तिख्या कारखान्याक भेट दिवप हें तिख्या कंपनीच्या विस्तारा खातीर म्हत्वाचें पावल मानतात. ह्या काळांत पोलाद मंत्र्यानि प्लांटाच्या चडश्या सगळ्या मुखेल युनिटांची तपासणी केली. हाचे उपरांत सगले वरिश्ठ अधिकारी आनी संघटनेचे फुडाऱ्यां कडेन बसका आनी चर्चा जावपाची शक्यताय आसा. तशेंच आज पोलाद मंत्री धनबाद हांगाच्या सेलच्या कोलियरी चसनल्ला प्रकल्पाक भेट दितले.

क्रिकेट - 40

भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी सूरू आशिल्ल्या टी -20 क्रिकेट खेळामाळेतलो तीसरो खेळ आयज गुजरातातल्या राजकोटात जातलो. हो खेळ निरंजन शाह स्टेडियमात सांजे सातांक जातलो. सूर्यकुमार यादवच्या फुडारपणाखाला भारताच्या पंगडान पाच खेळांच्या ह्या खेळामाळेत २ आड ० अशी आघाडी घेतल्या.

Under – 19 womens WC – 60

१९ वर्सां पिराय सकयल्ल्या बायलांच्या संवसारीक कप क्रिकेट सर्तींत सुपर सिक्स पावंड्यातल्या निमण्या खेळात आयज आदलो वस्ताद भारत स्कॉटलंड पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ मलेशियातल्या क्वालालंपूरातल्या बायुमास ओव्हल मैदानाचेर भारतीय वेळेप्रमाण दनपारा १२क जातलो.

भारतान अ गटातल्यान ऑस्ट्रेलिया पंगडासयत आदीच सर्तीच्या उपांत्य फेरीयेत पावल घाला. दुसऱ्या गटातल्यान दक्षिण आफ्रिका आनी इंग्लंडने निमण्या चार पंगडामदी सूवात मेळयल्या. शुक्रारा सर्तीचे उपांत्य फेरीचे खेळ जातले.

इंडियन सुपर लीग – 50

इंडियन सुपर लीग फुटबॉलसर्तीत, मोहन बागान सुपरजायंट्स पंगडान काल बेंगळुरू एफसी पांगडाक १-० अशे हारयले. हो खेळ कोलकात्यातल्या सोल्ट लेक स्टेडियमात जालो. ह्या जैता सयत , मोहन बागान १८ खेळात ४० गुणांसयत पयल्यासूवातेर आसा. आयज पंजाब एफसी जमशेदपूर एफसी पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ दिल्लीतल्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमात सांजे ७.३०क जातलो.